# पेंटिंग, वणटी चित्र, शिल्प कलाकारीगिरीखातीर प्रस्ताव

ता. 1 डिसेंबर 2017
10 मार्गशीष 1939

भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या रजिस्ट्रारान नवी दिल्लीत प्रगती मैदानाच्या कुशीक बांदपात येवपी सर्वोच्च न्यायालयाखातीरच्या अतिरिक्त कार्यालय प्रकल्पाखातीर पेंटिंग, वणटी चित्र अशा कलाकारीगिरीच्या कामांखातीर प्रस्ताव मागल्यांत. आदिवासी, प्रादेशिक कलाकारांकडल्यान 180ह50 मी. मी. आकारात कलाकारीगिरीचे पॅनल तयार करपाची संकल्पना आसा. कला काम कायम पेंटिंग, वणटी चित्र, शिल्प कारीगिरी प्रकारात आसचे. कला प्रकाराचो विशय कलाकारांन थारोवचो. सर्वोच्च न्यायालयाचो म्हत्वाचो निवाडो, सर्वोच्च न्यायालयाची फाटल्या 70 सर्वांची वाटचाल, वेगवेगळ्या राज्यांचे आनी संघ प्रदेशांचो सांस्कृतिक वारसो अशों कांय सूचक संकल्पना आसा.

सवोच्च न्यायालयाच्या रजिस्ट्रारान सगळ्यां राज्यांच्या आनी संघ प्रदेशांच्या अर्जदाराक आपली पेंटिंग, वणटी चित्र, शिल्प आनी कलाकसूरीचे कायम डिजायन वयल्या आकारात सुपूर्द करपाचे आव्हान केला.

गोंय राज्यातल्या इत्सूक कलाकारांनी आपले डिजायन ता. 18 डिसेंबर 2017 मेरेन कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा सुपूर्द करचें. जाणकार कलाकारांच्या पंगडावतीन प्रकल्प, डिजायन, संकल्पनेची निवड करतले आनी उत्कृश्ट प्रकल्प फुडलीं निवडीखातीर सर्वोच्च न्यायालयाच्या कार्यालयाक धाडून दितले.